प्रादेशिक खबरो 17.11.2025 @ 7.20 pm

लोकामुखार सत्य कीते ते दवरपाच्या नदरेतल्यान पत्रकारीता आयच्या काळातले लेगीत महत्वाचे माध्यम जावन आसा अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी उक्तायला

आम आदमी पक्षान जिल्लो पंचायत वेंचणूक लढोवपी पयल्या 14 उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या

जिल्हा पंचायत वेंचणुकेत भारतीय जनता पक्षाच्या वेंचणुकेची सवीस्तर कार्यावळ जाहीर जातकीर उमेदवारांची घोशणा जातली

कला अकादेमीच्या भांगरा महोत्सवी कोंकणी नाटक सर्तीचो निकाल जाहीर जाला

लोकामुखार सत्य कीते ते दवरपाच्या नदरेतल्यान पत्रकारीता आयच्या काळातले लेगीत महत्वाचे माध्यम जावन आसा अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी उक्तायला.पेपराचो खप वाडचो म्हण बातमी सनसनाटी करची न्ही अशेय आवाहन तांणी केला.राश्ट्रीय पत्रकार दिसाच्या कार्यावळीत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत उलयताले. ह्यावेळार तांच्या हस्तुकी, द गोवन एवरी डे चे संपादक जोयल आफांन्सो, तरुण भारत दिसाळ्याचे ज्येष्ठ पत्रकार जय नाईक, भांगरभुंयचे ज्येष्ठ पत्रकार अतुल पंडीत, दौनिक नवप्रभाचे ज्येठ पत्रकार बबन भगत, द नवहिन्द टायम्सचे ज्येश्ठ फोटोग्राफर नंन्देश कांबळी हांचो पत्रकारीतेतल्या योगदानाखातीर भौमान केलो. तशेंच नामनेचे कार्टुनिस्ट एलेक्सीज फर्नाडीस हांका जीवनगौरव पुरस्कार ह्यावेळार भेटयलो. सत्य सदाच महत्त्वाचे आसा आणि ते लोकां मुखार येवूंक जाय.

वृत्तांकन करताना, दोनुय बाजू समजुन घेवप अत्यंत महत्त्वाचे आसा . सरकार राज्याच्या विकासा खातीर काम करता आणि बरे काम करताना सरकाराचेर टीका करून लोकांचे तसेच राज्याचे नुकसान करचे न्हय. राज्याची प्रतिमा आमका सर्वोच्च आसा आणि ती तीगोव्न दवरपाक आमी काम

करूया असे तानी  म्हणले. पत्रकार आनी प्रसार माध्यमांचे प्रस्न आनी मागणी सोडोवपाचे आपूण लक्ष घालतलों अशें तांणी आश्वासन दिलें.Byte
कार्यावळीच्या सुरवेक बायला पत्रकारांचे पत्रकारीतेतले  आव्हान आनी संद ह्या विशयाचेर  चर्चासत्र जाले .हांतुन देविका सिक्वेरा, गौरी मळकर्णेकार, संगीत नायक,डायना फर्नांडीस, प्रज्ञा गावंकार राणे हया पत्रकारांनी वाटो घेतिल्लो.
म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे सचीव सरप्रितसिंग गील मानाचे सोयरे अशील्ले. संचालक दीपक बांदेकार तशेंच हेर मानेस्त हेवेलार हाजीर आशील्ले.

गोवन वर्ताचे संपादक पांडुरंग गांवकार (राष्ट्रीय एकात्मता आनी समाजीक समेट,) लोकमत (ग्रामीण अहवाल)चे पत्रकार अजय बुवा, भौशीक भलायकी आनी नितळसाण पत्रकारिता विभागांत नवविंद टाइम्साचे वरिश्ठ उपसंपादक आनी पत्रकार  रमणदीप कौर, विभा वर्मा (बायल आनी भुरगीं/समाजीक हांचे विशीं खासा संदर्भात वार्तांकन) हांकां पुरस्कार फावो जालो. मार्कस मेरगुल्हव (खेळ अहवाल), गौरी मलकर्णेकार (कला आनी संस्कृती अहवाल), राजतिलक नायक (फोटोग्राफी- सर्वोत्कृष्ट छायाचित्र), क्रिस्टीन मचाडो (शिक्षण अहवाल) आनी समीप नार्वेकर (सरकारी कामगिरी अहवाल) हान्काय पुरस्कार भेटयले.

गोंय राज्य छायाचित्रण सर्त आनी प्रदर्शन 2014 येवजणे खाला जाल्ल्या छायाचित्रण सर्तीचो निकाल जाहीर केलो विकसित गोवा - राज्याचो सर्वांगीण विकास या श्रेणीत अरुणाभ भट्टाचार्य पयले  इनाम, सिद्धेश मयेंकार दुसरे अभिनव भट्टाचार्य तिसरे इनाम फावो जालो. अक्षंदा राणे, गणेश शेटकार, अमृत रमाकांत शेट, नारायण पिसुर्लेकर आनी प्रमोद ठाकुर हांकां उमेद वाडो वपी इनामां फावो जालीं.

आम आदमी पक्षान जिल्लो पंचायत वेंचणूक लढोवपी पयल्या 14 उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या. हातूंत सध्याचो जिल्लो पंचायत वांगडी जोसेफ पिमेन्ता बाणावली मतदारसंघांतल्यान परत एक फावट वेंचणूक लढयतले. दक्षिण गोंयांत हेरकडेन राय मतदारसंघांतल्यान लुईस ओलिव्हेरा, वेळ्ळीतल्यान इसाका

फर्नांडीस, कोलव्यातल्यान आंतोनियो फर्नांडीस, नावेलीतल्यान बियाट्रीस डिसोझा, सावर्डेसावन उर्मिला उमेश कालेकार, शेल्डेसावन जेम्स फर्नांडीस आनी पैंगीण मतदारसंघांतल्यान राजेश गांवकार हांकां उमेदवारी जाहीर केल्या.
उत्तर गोंयांत मोरजे सुवर्णा हरमलकार, धारगळे प्रसाद शहापुरकार, शिरसय उमेश कवठणकार, मयां पेरपेत मायकल डिमेलो, खोर्ले पास्कल फर्नांडीस आनी नगरगांवांतल्यान अर्जुन गुरव हांकां उमेदवार जाहीर केल्या.

जिल्हा पंचायत वेंचणुकेत भारतीय जनता पक्षाचो म्हजे घर येवजण आनी सरकारान केल्या उदरगतीचेर भर आसतलो. वेंचणुकेची सवीस्तर कार्यावळ जाहीर जातकीर उमेदवारांची घोशणा जातली. पक्षाच्या सुकाणू समितीच्या बसकेत जिल्हा पंचायत वेंचणुकेचो प्रचार आनी रणनितीचेर विचार जालो, अशी म्हायती सुकाणू समितीचे वांगडी सिद्धार्थ कुंकळ्येकार हांणी दिली. राज्यात 13 डिसेंबराक जिल्हा पंचायत वेंचणूक जातली. खयच्याच खीणाक आचारसंहिता लागू जावपाची आशिल्ल्यान भारतीय जनता पक्षान वेंचणुकेची तयारी सुरू केल्या. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांचे फुडारपणाखाला सुकाणू समितीची बसका जाली. हे बसकेक सिद्धार्थ कुंकळ्येकार, भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, चंद्रकांत कवळेकार, पंचायत मंत्री मॉवीन गुदिन्हो, खासदार सदानंद शेट तानावडे, खेळा मंत्री रमेश तवडकार, आदले खासदार विनय तेंडुलकार हाजीर आशिल्ले.जिल्हा पंचायतीची आचारसंहिता लागू जाली काय पक्षाचे उमेदवार जाहीर जातले. प्रचार तशेच रणनितीचेर बसकेत चर्चा जाली.

मुखेलमंत्री आप रोजगार येवजण प्रशिक्षणाची पयली कार्यशाळा ईडीसी वरवीं २६ ते २९ नोव्हेंबर मजगतीं जातली. कार्यशाळे खातीर ७५० रुपया शुल्क आसा. विद्यार्थी, शिक्षकां खातीर ती फुकट आसतली.शिक्षण खातें, तांत्रीक शिक्षण संचालनालय, उच्च शिक्षण संचालनालय, कुशलता विकास संचालनालयाच्या सहकार्यान ही येवजण राबयतले.

२०३० मेरेन स्टार्ट अप आनी उद्देगां खातीर बरे वातावरण, सुविधा उबारपाचें उद्धीश्ट आसा, अशी म्हयती ईडीसीच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. आयटीआय, पॉलीटेक्नीक आनी हेर महाविद्यालयांतल्या प्राध्यापकांक उद्देजकताये विशीं प्रशिक्षण दितले. हांगा प्रशिक्षण घेतिल्ले प्राध्यापक आपआपल्या महाविद्यालयांत विद्यार्थ्यांक प्रशिक्षण दितले.

खाशेल्या सघन पुनरावृत्ती म्हण्ल्यार SIR हे प्रक्रिये खाला सुरवाती सावन पुरायपणान नवी वेंचणूक वळेरी तयार करप ह्या मुखेल हेतान देशभरांतल्या एसआयआर प्रक्रियेची तारीख मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी जाहीर केली. ते खातीर पुराय देशभरा सयत गोयातूय BLO म्हण्ल्यार बूथ लेवेल अधिकारी घरा घरानी फिरून फोरमा वाटतात. हे विशी मतदारांनी गणनेचो फॉर्म सादर करचो आणि स्वच्छ, अद्ययावत आणि वेवस्थित मतदार वळेरी तयार करपाक मदत करची .हे विशी आय्कात DISTRICT ICON प्रदीप आनंद नाईक हांचे म्हणणे BYTE

कला अकादेमीच्या भांगरा महोत्सवी कोंकणी नाटक सर्तीचो निकाल जाहीर जाला. हे सर्ती खातीर पयलें एक लाख रुपया रोख इनाम सियावर राम ह्या गिमोणे दिवचल हांच्या ‘भोगपर्व’ नाटका खातीर फावो जाला. दुसरें इनाम 75 हजार रुपया रसरंग उगवेच्या ' जनेल ' नाटकाक मेळ्ळां. तिसरें इनाम 50 हजार रुपया श्री सातेरी कला मंच मोर्ले सत्तरी हांच्या काणी शी जुनिच.... पुण ह्या नाटकाक मेळ्ळां. बापू-गांधी ह्या नाटका खातीर अंत्रुज घुडयो बांदोडा फोंडा आनी अस्तूरी नाटका खातीर द हाउसिंग बोर्ड कॉलोनी रेसिडेन्स असोसिएशन सांखळी हांका दरेकीं 25 हजार रुपयांचीं दोन उमेद वाडोवपी इनामां मेळ्ळ्यांत. उत्कृश्ट दिग्दर्शनाचें पयलें इनाम अश्वेक अशोक गिमोणकार हाका भोगपर्व ह्या नाटका खातीर आनी दुसरें इनाम निलेश महाले हांकां जनेल नाटका खातीर मेळ्ळां. अभिनय पयलें इनाम दादले गटांत रघुनाथ साकोर्डेकार दुसरें रामा गावस बायलां गटांत दिव्या गावस हांका पयलें आनी सुविधा तोरगल - बखले हिका दुसरें इनाम मेळ्ळें. उत्कृश्ट वेशभूषा ममता शिरोडकाराक उत्कृश्ट प्रकाश योजना निलेश महाले हांका फावो जाल्यांत .

विजयकुमार कामत, सतीश गावस आनी दीपलक्ष्मी मोघे हांणी सर्तीचें परीक्षक म्हणून काम पळयलें.

22 आनी 23 नोव्हेंबराक कन्नूर - केरळ हांगा जावपी २६व्या अखिल भारतीय कोकणी साहित्य संमेलनाचे उक्तावण सरस्वती सन्मान पुरस्कार मेळिल्ले नामनेचे साहित्यकार प्रभा वर्मा हांचे हस्तुकी जावपाचे आसा. अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेन उजवाडाईल्ल्या खबरेत २२ नोव्हेंबरक कन्नूर केरळ हांगाच्या ए. जे. सभागृहात सकाळी १० वरांचेर हो उक्तावण सुवाळो जातलो. ह्या सुवाळ्याक मानाचे सोयरे म्हूण गोंयच्या राजभास संचालनालयाचे उपसंचालक अनिल सावंत हाजीर आसतले. ह्या संमेलनाचे अध्यक्षपदार नामनेचे साहित्यीक लेखक माधव बोरकार आस्तले. 23 तारखेक दनपारां 3.30 वरांचेर समारोप सुवाळो सुरु जातलो. ह्या सुवाळ्याक केरल उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश एन. नागेश मुखेल सोयरे म्हूण तर नामनेचे कन्नड लेखक जयंत कायकिणी मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आसतले

2025 वर्साच्या फिडे वर्ल्ड चॅम्पियनशिपात पांचवे क्लासिकल मॅचींत अर्जुन एरिगायसीन, जीएम लेव्हन एरोनियन हांचे आड मॅच जिखून संवसारीक सर्तीच्या क्वार्टर फायनलींत सुवात मेळयल्या आनी फुडें वचपी पयलो भारतीय थारला. उपांत्य फेरयेची सवी टप्प्याची सुरवात आज सुरु आसा आनी यजमान राष्ट्रा खातीर अर्जुन हो एकूच आस्त आसा.

चिखली वास्कोच्या राजश्री पेडणेकर हाका बंगळुरुत जाल्या WPC राष्ट्रीय उक्त्या पावर लिफ्टिंग आनी डेड लिफ्ट सर्तीत बायला गटात दोन भाग्रा पदका फाव जाली आणि ताने सर्व साधारण लीफटीनगात उप विजेतेपद मेळयले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 19 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात

वातावरण सुके आणि वताळ आसतले  आनी हलके ते मध्यम धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला